दक्षिण गोंयचीं रेस्टोरंटा बंद दवरपाचो दक्षिण गोंय दंडाधिकार्यांचो आदेश

पणजी 26 एप्रिल 2020

वैशाख 6,1941

देशातल्या सद्या कोविड-19 महामारी लागून जाल्ल्या भलायकी आपत्कालीन परिस्थितीच्या पार्श्वभूमीचेर आनी ही महामारी सगळी कडेन पसरची न्हय म्हूण दक्षिण गोंय, जिल्लो दंडाधिकार्यांन दक्षिण गोंयची सकयल्यो गजाली बंद करपाचो आदेश दिला.

रेस्टोरंट, चायेची दुकानां/पानपट्ट्यो, हेर खाद्यपदार्थ्यांची दुकानां/ खाद्य केंद्र (धाबे, गाडे), स्ट्रिट फूड विक्रेते, दर्या वेळेवयलीं शॅका, हेर खाद्यपदार्थांचे प्रकार, व्यायामशाळा, सिनेमा थियेटर, सगळीं सार्वजनीक आनी खासगी सभागृह, सार्वजनीक स्विमींग पूल, दोनूय स्टँड अलोन आणि हॉटेल्स/रिजोर्टांतली हेर, कसिनो, स्पा आनी मसाज पार्लर/सलून, रिव्हर क्रुझ, नाईट क्लब, दक्षिण गोंय जिल्ल्यातले सगळे परवाने जाग्यार सोरो विक्री आनी सेवन, मल्टीप्लेक्स, मार्केट/मार्केट संकूल, शॉपिंग मॉल्स.

तशेंच, रेस्टोरंट आनी हेर खाद्य केंद्रांक फक्त होम-डिलीवरी/टेक अवे खातीर काम सुरु दवरपा खातीर परवानगी दितले.

खंयच्याय व्यक्तीन हया आदेशाचो भंग केल्यार भारतीय दंड संहिता कलम 188 च्या अंतर्गत ख्यास्त दिवपाक येतली.
DI/NB/PN/SGN/DSK/GD/2020/1920

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA